**राज्यपालाकडल्यान ईद-उल- झुहाची परबीं**

ता. 20 जुलय 2021

राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी गोंयच्या लोकांक आनी खास करून मुस्लिम भावणांक 21 जुलय 2021 दिसा मनोवपात येवपी ईद-उल-झुहाच्या शुभ प्रसंगार आपली परबीं आनी शुभकामना भेटयल्या.

राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, “ ईद-उल-झुहा वा बकरीईद म्हळ्यार म्हान त्यागाची परब आनी इस्लाम समाजाचो एक म्हत्वाचो सण आसा. ईश्वराच्या आज्ञनेचे पालन करपा खातीर आपल्या पुताचो त्याग करपा खातीर इब्राहिमान दाखयिल्ल्या नम्रतायेच्या उगडासाक ही परब मनयतात.

सगळें धर्म मोग, शांतीकाय आनी बंधुत्वाच्या विश्वव्यापी मुल्यांची शिकवण दिता. ह्या सणातल्यान विविधतायेत एकजूटीची भावना वाडिक लागू आनी आमच्या देशाची धर्मनिरपेक्षताय मजबूत जाव.

गोंय आपल्या एकजूट आनी जातीय सलोख्याच्या समृध्द परंपरेखातीर फामाद आसा. ही किर्तवंत परंपरा सांबाळून दवरपाक आनी ती अदीक समृध्द करपा खातीर आमी ह्या शुभ प्रसंगार आमची वचनबद्दताय आनीक धट करूया.

ह्या वर्सा ईद-उल-झुहा मनयताना आमी भलायकीचे सगळें शिश्टाचार कडकपणान पाळून सुरक्षीत रावपाचे विसरूक फावना. ह्या वर्सा ईद-उल-झुहा सगळ्यांक शांतीकाय, भरभराट आनी नवी उमेद घेवन येव, अशें राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा.

म्हा /सप/ ऑप / विगां/ 2021/605

-

-

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji